**नाविकांक कळोवणी**

ता. 17 डिसेंबर 2021

बंदर कप्तान खात्यान कळीत केला की प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी 61 व्या गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्या खातीर 19 डिसेंबर 2021 दिसा गोंय भेटीर येवपाचे आसात आनी ते मिरामार दर्यावेळेर तारवांचे संचलन पळोवपाक उपस्थित रावतले.

वयल्या फाटभुंयेर शेनवार ता. 18 डिसेंबर आनी आयतार ता. 19 डिसेंबर 2021 दिसा दनपारां 1.00 ते सांजेची 5.30 वरांमेरेन मांडवी न्हंयत मांडवी पूल ते आग्वाद पट्ट्यामेरेन येरादारी करपाक सगळयां उदका मार्ग येरादारीक (अत्यावश्यक सेवा सोडून) बंदी आसतली.

ते खातीर वयल्या उदका मार्ग क्षेत्रातल्यान येरादारी करपी सगळयों बार्जी, प्रवासी लाँची, क्रुईज बोटी, उदकाखेळ बोटी, पनेळ, फेरीबोटीं, नुस्तेमारी बोटीं, आनी हेर यांत्रिकीं आनी बिनयांत्रिकीं नाविकांनी वयल्या काळांत सदर न्हंय वांठारांतल्यान येरादारी करची न्हय.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1056

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji